# संजीव वेरेंकार हांच्या साहित्याचेर आयतारा मिनेझीस ब्रागांझांत चर्चा

**भांगरभूंय । प्रतिनिधी**



**पणजी:** साहित्य अकादेमी नवी दिल्ली, इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा पणजी आनी कोंकणी लेखक संघ हांच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या 'म्हजे नदरेंतल्यान' हे कार्यावळींत नामनेच्यो साहित्यीक लोकवेद संशोधक डॉ. जयंती नायक साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतिवंत कवी स. संजीव वेरेंकार हांच्या व्यक्तीमत्वां विशीं आनी तांच्या समग्र साहित्यां विशीं उलयतल्यो. ही कार्यावळ आयतर 27 ऑगस्ट 2023 दिसा सकाळीं 10 वरांचेर इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत जातली.

साहित्यिकांनी, म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांनी, संजीवाच्या इश्टमित्र परिवारान, बरें मागप्यांनी व्हड संख्येन हाजेरी लावन कार्यावळ जैतिवंत करची अशें आयोजकांनी नमळायेन मागला. 29 ऑगस्टाक स. संजीव वेरेंकाराचो वाडदीस ते निमतान साहित्य अकादेमीन ही कार्यावळ दवरल्या.